**उदका मार्गांचो विकास करपाक सरकाराचे यत्न- मायकल लोबो**

ता. 27 जानेवारी 2020

राज्यातल्या बंदरांचो विकास करून उदका मार्गान म्हाल येरादारीत वाड करपा खातीर सरकाराचे प्रयत्न आसा, अशें बंदर कप्तान आनी कोयर वेवस्थापन खात्याचे मंत्री श्री. मायकल लोबो हांणी म्हापशा प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो हुबयले उपरांत उलयताना सांगले.

गोंय हे संवसारातले फामाद अशें पर्यटन स्थळ आसून देश-विदेशातल्या पर्यटकांक आकर्शीत करपा खातीर पर्यटन स्थळां वांगडाच राज्यात सगळी कडेन नितळसाण राखपाची गरज आसा आनी त्या खातीर राज्यात आधुनिक कोयर प्रक्रिया प्रकल्प उबारून गोंय 2022 मेरेन कोयरमुक्त राज्य करपाचो सरकाराचो संकल्प आसा, अशें लोबो हांणी सांगले.

श्री. लोबो हांणी लोकांच्या आनी खास करून ग्रामीण वाठारांतल्या बायलांच्या विकासाखातीर ग्रामीण विकास यंत्रणेमार्फत अनेक येवजणो राबोवपात येता म्हणपाचे सांगून मेरशेच्या नियोजीत बाजार प्रकल्पाक चालना दिवन बायलांच्या आप मजत गटांक आपलो वेवसाय करपाक स्टॉल्स उपलब्ध करून दिवपाक सरकाराचे प्रयत्न आशिल्ल्याचेय तांणी सांगले.

प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्याक म्हपशेंचेआमदार श्री. जोशुआ डिसौजा, थिवीचे आमदार श्री. निळकंठ हळर्णकर, नगराध्यक्ष श्री. रायन ब्रागांझ,अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री. महादेव आरोंदेकर, उपजिल्हाधिकारी, मामलेदार, हेर सरकारी अधिकारी , विद्यार्थी आनी नागरीक हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार वेगवेगळ्या शाळांच्या भुरग्यांनी सांस्कृतीक कार्यक्रम सादर केलो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/80

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA